आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

Date :24/01/2026 7.20 pm

मुखेल खबरो

- चिंबल तोयार तळ्याचें सर्वेक्षण आयज शनवार सावन सूरू जाले.
- हरीद्वारच्या पतंजली योगपीठ उपरांत गोंय सरकाराच्या
- सहकार्यान आमी गोंयात पतंजलीचें सगळ्यांत व्हडलें **wellness center** बांदपाचे आसात अशे बाबा रामदेव हांणी सांगलें.
- अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक तांच्या घरा वचुन सुविधा दिवपा खातीर 'दिव्यंग रथ' येवजणेची  अधिसुचोवणी सरकारान आयज जाहीर केल्या.
- राष्ट्रीय मतदार दिसाच्या निमतान फाल्या राज्यात तरेकवार कार्यावळी आयोजित केल्यात
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू फाल्यां 77व्या प्रजासत्ताक दिसाच्या पूर्व सांजेर देशाक उद्देशून उलोवप करतल्यो

चिंबल तोयार तळ्याचें सर्वेक्षण आयज शनवार सावन सूरू जाले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी चिंबल ग्रामस्थ हांचे मदीं बुधवारा जाल्ले बसकेंत चिंबल तळ्याचो प्रभावीत वाठार निश्चीत करपा सयत युनीटी मॉला मेरेनच्या जाग्याचें सर्वेक्षण करपाचेर एकमत जाल्लें. बसकेंत थारिल्लें प्रमाण अधिकारी शुक्रारा सर्वेक्षण करपाक आयिल्ले. अधिकाऱ्यांनी फकत सर्व्हे नंबर ४०/१ चें सर्वेक्षण करपाक सुरवात केल्या आनी तळ्याचो मुखेल भाग हो दुसऱ्या सर्व्हेंत येता म्हूण थळाव्यांनी वाद घालो.

ह्या वेळार अभियंते प्रमोद बदामी, गोंय जैवविधताय मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. प्रदीप सरमोकादम, एनआयओचे तज्ञ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. सरकारच्या युनिटी मॉल प्रकल्पाआड ग्रामस्थांचे आंदोलन सूरू आसा.

हरीद्वारच्या पतंजली योगपीठ उपरांत गोंय सरकाराच्या
सहकार्यान आमी गोंयात पतंजलीचें सगळ्यांत व्हडलें wellness center बांदपाचे आसात अशे बाबा रामदेव हांणी पणजे पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. गोंय सरकाराक wellness center खातीर थेरपिस्ट आनी दोतोरांचीय गरज आसा -हाचे खातीर व्हड प्रमाणांत वेवस्था करतले. बाबा रामदेव हाचें "योग फॉर ऑल, योग फॉर सोल ह्या संकल्पनैचेर गोंयच्या IAS,IPS, तशेंच सरकारी अधिकाऱ्याखातीर आयज पणजेंत योग सेतुचेर  सत्र जाले.ह्यावेळार ते भलायकी आनी निरोगीपणाचेर उलयलें."

अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक (पीडब्ल्यूडी) तांच्या घरा वचुन सुविधा दिवपा खातीर 'दिव्यंग रथ' येवजणेची  अधिसुचोवणी सरकारान आयज जाहीर केल्या.हे येवजणे खाला मान्यताय मेळिल्ले एनजीओ आनी public charitable trust फिजियोथेरपी, स्पीच थेरपी, आनी ऑक्युपेशनल थेरपी अशो

घरगुती उपचार सेवा दितले, तशेंच सहाय्यक मदत आनी उपकरणां दितले. हे येवजणे वरवीं अपंगत्व प्रमाणपत्रां, युडीआयडी कार्डां, सरकारी कल्याणकारी येवजण्यांचो वापर करपाक सुविधा मेळटली. ही येवजण उत्तर आनी दक्षिण गोंय ह्या दोनूय जिल्ह्यात चलतली. दोन्हूय जिल्ह्यात सरकार एक एनजीओ वेंचून काडटले. कर्मचाऱ्यांचे मानधन आनी कार्यकारी खर्च आस्पावपी त्रैमासिक अनुदान-मदत म्हणून अर्थीक मजत सरकार दितले.

राष्ट्रीय मतदार दिसाच्या निमतान फाल्या सकाळी धा वरांचेर फोणेच्या राजीव गांधी कला मंदिरात विद्यार्थ्यां खातीर खासा जागृताय कार्यावळ जातली. ह्या कार्यावळीक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू उपस्थित रावतले अशी म्हायती दक्षीण गोयच्या अतिरिक्त जिल्होधिकाऱ्यांनी एका परिपत्रका वरवी दिल्या. लोकशाहीची तत्वां , महत्व तशेंच मतदानाचे महत्व पटोवन दिवपी ह्या कार्यावळीक चडान चड ' पयले फावट मतदान करपी ' मतदारांनी हजेरी लावंची अशें आवाहन शिक्षक संचालनालयान केलां.

मजगती फाल्या 25 जानेवारीक सकाळीं 11.00 वरांचेर एस.झेड. कासिम सभाघर एनआयओत राष्ट्रीय मतदार दिसा निमतान कार्यावळ जातली . गोंयच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याचें कार्यालय आनी उत्तर गोंय जिल्हो वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या समन्वयान हि कार्यावळ जातली जिल्लोधिकारी/जिल्हो वेंचणूक अधिकारी अंकीत यादव ह्या कार्यावळीचे मुखेल सोयरो आसातले.जागृताय आनी वेंचणुकेंत वांटो घेवपा खातीर दर वर्सा एका विशिश्ट संकल्पनेचेर राष्ट्रीय मतदार दीस मनयतात. अंदूच्या राष्ट्रीय मतदार दिसाचो विशय 'माझो भारत, म्हजें मत' आसून 'भारतीय लोकशाहीच्या केंद्रस्थानी नागरिक' ही टॅगलाइन आसा . सगळ्या लोकांनी ह्या कार्यावळीक हाजीर रावचे अशे 'जिल्लो वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान मागला .

इतले मजगती भारत सरकाराचें युवा वेव्हार आनी खेळांमंत्रालय, फाल्या दिसा सगळ्या राज्य आनी केंद्र शाशित प्रदेश आनी जिल्लो मुख्यालयांत राष्ट्रीय मतदार दीस पदयात्रा 2026 घडोवन हाडटा, लोकशाय प्रक्रियेंत तरणाट्यांनी चडांत चड वांटो घेवचो हो ताचो हेतू आसा. देशव्यापी तरणाट्यांची संघटना उपक्रम राष्ट्रीय मतदार दिसाचें औचित्य साधून सुरु जाला. ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेतू तरणाट्यां मदीं मतदार जागृताय वाढोवप, नैतिक आनी सहभागी वेंचणूक प्रक्रियेंत वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवप हो आसा. पदयात्रा, मतदार नोंदणी मोहीम, जागृताय संवाद, प्रतिज्ञापत्रां आनी समाजीक सहभाग ह्या उपक्रमांखाला येतात. ह्या उपक्रमांतल्यान लोकशाय मुल्यां घटमूट जावपाक मदत मेळटा.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू फाल्यां 77व्या प्रजासत्ताक दिसाच्या पूर्व सांजेर देशाक उद्देशून उलोवप करतल्यो . सांजे 7 वरांचेर दूरदर्शनाच्या सगळ्या चॅनलांचेर आनी आकाशवाणीच्या पुराय राष्ट्रीय नेटवर्कांचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें . हिंदीं आनी इंग्लीश प्रसारण उपरांत रातच्या 9.30 वरांचेर प्रादेशिक भाशेतल्यान आकाशवाणीच्या प्रादेशिक नेटवर्कांचेर प्रसारीत जातले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल अपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

राज्यपाल पूसापती अशोक गजपती राजू हांणी आयज लोकभवनांत पर्यटन मंत्री श्री रोहन ख्वाटे हांच्या हाजिरेंत ‘लोकभवन दर्शन’ भोंवडेक पाचवो बावटो दाखयलो. गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाच्या (जीटीडीसी) सहकार्यान लोकभवन भोंवडीक परतून सुरूवात जाल्या. गोंयांतल्या अणभवाचेर आदारिल्ले पर्यटन कंपनी ‘सोल ट्रॅव्हलिंग’ हे संस्थेन ध्वज उबारल्या उपरांत लोकभवन वाठारात एक मार्गदर्शित भोंवडी आयोजीत केली. तातूंत लोकभवन वाठारातले कॅपेल, इतिहासीक तोप, वखदी वनस्पती बाग, सुकण्यांचें अधिवासासयत सैमीक सुवात आनी लोकभवनांतलीं हेर मनोरंजक सुवातीची म्हायती दिली.ह्या वेळार राज्यपालाचे सचीव अर्जुन मोहन, आयएएस, उपमहाव्यवस्थापक आनी जनसंपर्क अधिकारी, जीटीडीसी दीपक नार्वेकर, जीटीडीसीचे सरव्यवस्थापक विपणन गॅविन डायस आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

दक्षिण गोंयचे खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडीस हांच्या थळाव्या खासदार निधी येवजणेंतल्यान गोकुल्डे-केपेच्या श्री दयानंद बांदोडकार शाळेक नवी बस दिली. हे बशीचें उक्तावण खासदार फर्नांडिस हांणी केले. ह्या वेळार केपेचे आमदार एल्टन डिकोस्ता आनी शाळा वेवस्थापक आनी आदले मंत्री प्रकाश वेळीप हाजीर आशिल्ले.ह्या वेळार उलयतना खासदार फर्नांडीस हांणी सांगलें की, जिल्हयांतल्या शाळांक वेगवेगळ्या तरांनी मजत करपा वांगडाच आपूण विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादता आनी ह्या विद्यार्थ्यांनी एक बरें सपन पळोवचे हे सांगपाचो यत्न करता. विद्यार्थ्यांनी देशाची सेवा करची. कांय विद्यार्थ्यांनी भारतीय सैन्यांत भरती जावचे ह्या खातीरय आपले यत्न चालू आसात अशें तांणी सांगलें.

भारत उर्जा सप्तक 2026 ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखे सावन गोंयांत जातलें. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ले उक्तावण परिशदेंत उलोवप करतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें की आयईडब्ल्यू 2026 हें उर्जा सुरक्षा, अर्थीक वाड आनी शाश्वतता हांचे खातीर भारताच्या वचनबद्धतेचें प्रतिबिंब आसा.

**राजेश ६०** गोंय सरकारचे कला आनी संस्कृती खाते , वेस्टर्न झोन कल्चरल सेंटर उदयपूर राजस्थान तशेच रवींद्र भवन साखळी हांच्या जोडपालवान फाल्या 25 जानेवारीक साखळीच्या रवींद्र भवानात सांजवेळा स वरांचेर लोकोत्सव 2026 ही सांस्कृतिक कार्यावळ जातली. देशातल्या विविध भागातल्यान सांस्कृतिक नाच सादर जातले.हे कार्यवळीक मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत, रविंद्र

भवन चे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर, नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू परब आनी हेर मानेस्त हजर आसतले. १००

स्वयंपूर्ण आनी आत्मनिर्भर योजनेअंतर्गत राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांच्या स्वप्नातले हरित गोंय चे सपन पुराय करपाच्या उद्देशान घाडीवाडा सुर्ला हांगसर 15 हेक्टर शेतजमीन नमस्कार लागवडीखाला हाडपाचो निर्णय घेतला. ह्या वेळार दिवचल तालुका फार्मर्स क्लबचे अध्यक्ष विश्वंभर गावस, तालुका शेतकी विभागाचे अधिकारी आनी हेर मानिस्त हजर आसले .

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३३.4 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे १९.३ औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे १८.६ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

सरसांगण ४० प्लस टी-२० लेदरबॉल क्रिकेट सर्तीत एस-2 स्ट्रायकर्स पंगडान मापुसा ड्रीम क्रशर्स पंगडाक 5 विकेटींनी हारयलो, जाल्यार गोविंदराज लेजेंड्स आनी ब्रह्मपुत्र बुल्स हांचे मदलो खेळ बादाबाद उरलो

एक फावट मुखेल खबरो

- चिंबल तोयार तळ्याचें सर्वेक्षण आयज शनवार सावन सूरू जाले.
- हरीद्वारच्या पतंजली योगपीठ उपरांत गोंय सरकाराच्या
- सहकार्यान आमी गोंयात पतंजलीचें सगळ्यांत व्हडलें **wellness center** बांदपाचे आसात अशे बाबा रामदेव हांणी सांगलें.
- अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक तांच्या घरा वचुन सुविधा दिवपा खातीर ‘दिव्यंग रथ’ येवजणेची अधिसुचोवणी सरकारान आयज जाहीर केल्या.
- राष्ट्रीय मतदार दिसाच्या निमतान फाल्या राज्यात तरेकवार कार्यावळी आयोजित केल्यात
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू फाल्यां 77व्या प्रजासत्ताक दिसाच्या पूर्व सांजेर देशाक उद्देशून उलोवप करतल्यो